14.03.2025 @ 6.30 pm

आकाशवाणी पणजीच्या

Rbi 130

हवामान बदला आडच्या झुजत देशाचें उण्या कार्बन अर्थवेवस्थेंत संक्रमणाक गती दिवपा खातीर 'प्राधान्य क्षेत्रातली रिणां' हातूंत अक्षय उर्जा प्रकल्पांक अर्थीक आदार दिवपाक भारतान फुडाकार घेतला अशें रिझर्व्ह बँकेचे गव्हर्नर संजय मल्होत्रा हांणी सांगलें.काल नवी दिल्लींत हवामान बदल जोखीम आनी अर्थवेवस्थेवेले धोरण परिसंवादांत उलोवप करतना रिझर्व्ह बँकेच्या गव्हर्नरान सांगलें, की, प्रगत अर्थवेवस्थेंतल्या केंद्रीय बँकांनी परंपरेन मालमत्ता तटस्थ दृष्टिकोन आपणायला, जाल्यार दुसरे वटेन उदरगतशील बाजारपेठेंतल्या आनी विकसनशील अर्थवेवस्थेंतल्या केंद्रीय बँकांनी आपल्या अर्थवेवस्थेच्या कांय क्षेत्रांक रिणां दिवपा खातीर निर्देशीत रिणां धोरणां आपणायल्यात, तातूंत आपल्या देशाची परिस्थिती आनी उदरगतीच्या उद्दिश्टांचो विचार केला. भारताच्या मार्गदर्शक तत्त्वांक लागून प्राधान्य क्षेत्र रिणाचो भाग म्हणून सौर, जैवद्रव्य आदारीत, पवनचक्क्या, सूक्ष्म जलविद्युत प्रकल्प आनी अपरंपरागत उर्जा आदारीत भौशीक उपयुक्तताय म्हळ्यार रस्त्यार लायटीची वेवस्था आनी पयसुल्ल्या गांवांतल्या वीजीकरण प्रकल्पांक नवीकरणीय उर्जा प्रकल्पां खातीर रिणां मेळपाक पात्र आसात.

Holi 360

होळी हो रंगांचो उत्सव आयज देशभर पारंपारीक उमेदीन आनी खोशेन मनयतात. हो उत्सव वसंत ऋतूचो आगमन, वायटाचेर बऱ्याचे जैत आनी एकचार आनी भावपणाची भावना वाडयता. जात, पंथ, पिराय आनी लिंग हांच्या मर्याद हुपून लोकांक एकठांय हाडून एकचार, समता आनी भावपणाची भावन ना मनयता. होलीच्या एक दीस आदीं मनयतात त्या होलिका दहनान ही परब सुरू जाली, जी धर्माच्या जैताचें प्रतीक आसा.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज रंगांचो उत्सव होळीच्या शुभ निमतान देशांतल्या लोकांक परबीं दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत राष्ट्रपती सांगलें, हो उत्सव भारताच्या मोलादीक सांस्कृतीक दायजाचें प्रतीक आनी एकचार, मोग आनी समरसतायेचो संदेश दिता.

नागरीकांनी एकठांय येवन भारतमातेच्या सगळ्या भुरग्यांचें जिवीत सतत प्रगती, समृध्दी आनी सुखाच्या रंगांनी भरपाचें सोपूत घेवपाचे आवाहन केले. मुर्मू हांणी केलें.

उपराष्ट्रपती जगदीप धनखर आयज होळीच्या शुभ प्रसंगाचेर नागरिकांक परबीं दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत धनखड हांणी सांगलें, होळी वायटाचेर बऱ्याचो जैत आनी वसंत ऋतूचें आगमन दर्शयता , जे नवीन सुरुवात आणि नवीन दृष्टिकोनांचे प्रतीक आसा.दरेका नागरिकाक आपल्या विचारांक करुणेन, आपल्या कर्तुबांक दया व्हूपणान, आनी एका महान राष्ट्राच्या आशेन रंगोवपाची ही होळी याद करून दितली अशी त्यांनी इच्छा व्यक्त केली.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणीय होळीच्या निमतान लोकांक शुभेच्छा दिल्या. आनंद आनी खोशीन भरिल्लो हो उत्सव देशांतल्या लोकां मदल्या एकचाराचे रंग घटमूट करतना सगळ्यांच्या जिवितांत नवी उमेद आनी उर्जा हाडटलो अशें तांणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलां.

होळीचो उत्सव फकत रंग आनी गुजिया पुरतो मर्यादीत ना. हो उत्सव देशांतल्या वेगवेगळ्या राज्यांनी वेगवेगळ्या नांवां आनी वेगवेगळ्या परंपरेन मनयतात. ह्या उत्सवांत कांय लोक लठ्ठमार होळी खेळतात, जाल्यार कांय लोक लोकगीतां गावन खादी होळी मनयतात. उत्तर प्रदेशांतल्या नंदगांवांतले लोक भगवान श्रीकृष्ण आनी गोपाळांचो भेस करून होळी खेळपाक बरसाणाक येतात, थंय गांवच्यो बायलो तांकां बडयो मारतात. मध्य प्रदेशांत गेर- काढपाची परंपरा आसा जंय ते रंग गुलाल एकामेकांक लावून होळी मनयतात. उत्तराखंडांत लोक पारंपारीक वेशभूशेंत देवळां आनी भौशीक थळांक भेट देतात आनी लोकगीतां गायतात. हाका बैठाकी होळी म्हण्टात.

पंजाबांत निहंग आनंदपूर साहिबांत स्टंट करून होला मोहल्लाचो उत्सव मनयतात. तमिळनाडूंत भगवान विष्णुच्या देवळांनी तीर्थयात्रा आयोजित करतात. आनी मणिपूरांत ढोल वाजोवन कृष्णाची पुजा दर्शन करतात. अशे तरेन पुराय देश होळीच्या रंगांत भिजून होळी मनयतात.

जयपूरांतल्या गोविंददेवजी देवळांत आनी नाथद्वारांतल्या श्रीनाथजी देवळांत भाविक फुलां आनी गुलालान होळी खेळपाक पावतात. अजमेर लागसारच्या पुष्करांत एक खाशेली कार्यावळ घडोवन हाडटा, थंय हजारांनी देशी-विदेशी पर्यटक रंगांचो उत्सव मनयपाक आयल्यात. धुळंदी निमतान राज्यभर रंग आनी गुलालाने होळी मनयतात

CBSE 60

देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी होळी उत्सव आसले तरी शेनवारा जावपाची आशिल्ली बारावी परिक्षा थारायिल्ले प्रमाण जातली अशें केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ CBSEन सांगलां. हिंदी कोर आनी हिंदी ऐच्छिक विशयांची बारावी परिक्षा थारायिल्ल्या तारखेक जातली अशें मंडळान निवेदनांत सांगलां. तशेंच 15 मार्चाक परिक्षेक हाजीर रावंक

शकनाशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक राष्ट्रीय वा आंतरराष्ट्रीय पांवड्यावेल्या खेळां सर्तींनी वांटो घेवपी विद्यार्थ्यां खातीर आयोजीत केल्ले खाशेले परिक्षेंत हाजीर रावपाची संद दितले अशें तातूंत म्हणलां.